# भारत कुशळटाय सर्त 2025 खातीर नोंदणी सुरू

ता. 18 ऑगस्ट 2025

संवसारीक कुशळटाय सर्त 2026 खातीर कुशळटाय निवडी खातीर केंद्रीय कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय मंत्रालयाच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय विभागा वतीन राष्ट्रीय कुशळटाय विकास महामंडळच्या समन्वयान गोंयांत भारत कुशळटाय सर्त 2025 आयोजीत करपात येता. ह्या सर्तीचो भाग म्हणून, एक प्रारंभिक स्क्रीनिंग फेरी आसतली आनी त्या उपरांत जिल्हो, राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार कुशळटाय सर्त जातली. राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या सर्तीचे जैतिवंत चीनातल्या शांघाय हांगा जावपी संवसारीक कुशळटाय सर्त 2026 त भारताचे प्रतिनिधित्व करतले.

नोंदणी खातीर उमेदवार आनी सर्तका खातीर एकमेव पात्रता निकष म्हळ्यार सर्तकाचो जल्म 1 जानेवारी 2004 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय.

गोंय राज्या खातीर निवड केल्ल्या कुशळटाय कुशळटायेत पर्यटन क्षेत्रांत पेस्ट्री आनी कन्फेक्शनरी, रेस्टॉरंट सेवा, रांदप, बेकरी आनी हॉटेल रिसेप्शन, बी अँड डब्ल्यू क्षेत्रांत ब्युटी थेरपी, प्लंबिंग क्षेत्रांत प्लंबिंग आनी हीटिंग, एपेरल्स क्षेत्रांत फॅशन तंत्रज्ञान, भांडवली वस्तू क्षेत्रांत वेल्डिंग आनी इलेक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रांत रेफ्रिजरेशन आनी एअर कंडिशनिंग कुशळटायेचो आस्पाव आसा.

नोंदणी खातीर https://www.skillindiadigital.gov.in/home ही लिंक आसा आनी नोंदणीची निमाणी तारीख 30 सप्टेंबर 2025 आसा. अदीक म्हायती खातीर परीक्षा कक्ष, कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय, तिसरो माळो श्रमशक्ति भवन, पाटो-पणजी (0832-2437959, 9923166961) आनी ईमेल आयडी: worldskill-dsde.goa@gov.in चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/702

--

-------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.